9th Sept 2025 सकाळी – 8.40

मुखेल खबरो

- उपराष्ट्रपती पदा खातीरच्या वेंचणुकेखातीर, आज संसद भवन परिसरात वेचणूक जातली. सांजे ६ उपरांत, मतमोजणी जातली.
- प्रधानमंत्री मोदी आयज, हुंवार परिस्थितीचो आनी आदार पुनर्वसन यत्नांचो नियाळ घेवपाखातीर हिमाचल प्रदेश आनी पंजाब भेटेर वतले.
- फुटबॉलांत ताजिकिस्तानांत जाल्ल्या, काफा नेशन्स कप 2025त ओमानाक हारोवन, भारतान कांस्य पदक जिखलें.
- बुद्धिबळात, भारताच्या दिव्या देशमुखान, FIDE ग्रँड स्विस २०२५च्या उक्त्या गटात, तिचे पयले जैत जोडले.
- भारतीय हवामान खात्यान आयज, उपहिमालय अस्तंत बंगाला सयत, ईशान्य भारतात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

वेचणूक - 100

उपराष्ट्रपती पदा खातीर आज वेचणूक जातली. या वेचणुकेत एनडीएचे उमेदवार आणि महाराष्ट्राचे राज्यपाल सी पी राधाकृष्णन हांचो फुडो, इंडिया ब्लॉकचे उमेदवार आणि सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश बी सुदर्शन रेड्डी हांचे आड जातलो. मतदान सकाळी १०क सुरू जातले आणि सांजे ५ मेरेन चलतले. सांजे ६ उपरांत मतमोजणी जातली. उपराष्ट्रपतीची निवड, संसदेच्या दोन्ही सभागृहांचे सदस्य वेचणूक मंडळावरवी करतात. नवीन संसद भवनात गुप्त मतदाना वरवी मतदान जाता. उपराष्ट्रपती वेचणुकेत घाल्या, प्रत्येक मताचे मूल्य समान आसता. सध्या लोकसभेत ५४२ सदस्य आसात आणि राज्यसभेत २३९ सदस्य आसात. या वेळार उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर मतदार संख्या ७८१ आसा आणि बहुमताचो आकडो ३९१ आसा.

राधाकृष्णन -

सीपी राधाकृष्णन हांच्या उमेदवारीक लागून देशभर उपाट आशा निर्माण जाल्या, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी म्हणलें, कि राधाकृष्णन एक उत्कृश्ट उपराष्ट्रपती जातले, जें आपल्या बुद्धी आनी अंतर्दृष्टीन कार्यालय समृध्द करतले, अशें लोक मानतात.

मोदी HP -

प्रधानमंत्री मोदी आयज दनपारां हिमाचल प्रदेशांतल्या कांगडा जिल्ह्यांतल्या धर्मशाळा पावतले तशेच पंजाबाकय भेट दितले आनी दोनूय राज्यांतल्या हुंवाराच्या परिस्थितीचो आनी आदार आनी पुनर्वसन यत्नांचो नियाळ घेतले. प्रधानमंत्री धर्मशालांत, राज्य अधिकाऱ्यां वांगडा उंचेल्या पांवड्यावेल्या, पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले आनी संकश्टाक लागून त्रास जाल्ल्या, थळाव्या रहिवाशांचे कडेन संवाद सादतले. हिमाचल प्रदेशा उपरांत, प्रधानमंत्री पंजाबांतल्या हुंवार पिडित वाठारांचे हवाई सर्वेक्षण करपाचे आसात.

धर्मेंद्र प्रधान - 100

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हाणी म्हणला की, आत्मनिर्भर भारताचे स्वप्न शाळा आणि महाविद्यालयांमदी रुजपाक जाय, जय विद्यार्थी या अभियानाचे पथदर्शी म्हणून उदेतले. ताणी म्हणले की, विद्यार्थी तांच्या कुटुंबात आणि समुदायात स्वदेशी, नवोन्मेष आणि सांस्कृतिक अभिमानाची भावना पसरवंक

शकतात. नवी दिल्लीत एका बसकेत उलयताना मंत्री प्रधान हाणी म्हणले की, शिक्षण आणि कुशळताय ह्यो पूरक शक्ती आसात, जाणी आत्मविश्वासू आणि स्वावलंबी भारत निर्माण करपाक एकत्रितपणान काम करूंक जाय.

मुर्मू - 70

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी, नागरिकाक परत एकदा भारताक जागतिक व्यवसाय आणि ज्ञानाचे केंद्र करपाचे आवाहन केले. ABC आंतरराष्ट्रीय बाजार आनी भारतीय कंपन्यामदी एक सेतू म्हण काम करता, अशे ताणी म्हणले.

(Byte – Murmu ABC)

जागतिक अस्थिरतेचो राष्ट्रीय अर्थव्यवस्थेर कमीत कमी परिणाम जाणवतलो, अशी आत्मनिर्भर भारताची काय महत्त्वाची परिमाणा आसची, अशेय राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हिणे म्हळे. आमच्या अर्थवेव्स्थेत MSMEचे योगदान महत्वपूर्ण आणि तोखणायेचे आसा, अशेय तीणे म्हणले.

(Byte – Murmu MSME)

जयशंकर - 100

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला की, जागतिक आर्थिक चर्चेत व्यापार पद्धती आणि बाजारपेठेतलो प्रवेश, हे प्रमुख मुद्दे जाल्यात. ब्रिक्स

फुडाऱ्यांच्या शिखर परिषदेत आभासी माध्यमात संबोधित करताना, डॉ. जयशंकर हाणी शाश्वत व्यापाराक चालना दिवपाक, रचनात्मक आणि सहकार्यात्मक दृष्टिकोनाची गरज अधोरेखित केली. आंतरराष्ट्रीय व्यापार प्रणाली ही उक्ती, निष्पक्ष, पारदर्शक, भेदभाव रहित आणि नियमार आधारित दृष्टिकोनाच्या मुळाव्या तत्त्वांर आधारित आसा, जातुन विकसनशील देशांखातीर विशेष आणि भिन्न वागणूक आसा. भारताचो ठाम विश्वास आसा, की हाचे संरक्षण आणि संगोपन करपाक जाय. भाषणा वेळार तांणी सांगले, की ब्रिक्सान आंतरराष्ट्रीय अर्थव्यवस्था स्थिर करपाक आनी जागतिक चालू संघर्षांच्या परिणामांक तोंड दिवपाक काम करचे.

राजनाथ - 100

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी, नेव्ही चिल्ड्रन स्कूलाच्या विद्यार्थ्यांक, एका उद्देशान स्वप्न पळोवपाचे आणि राष्ट्रीय अभिमान जपपाचे तशेच प्रामाणिकपणान तांचे ध्येय साध्य करून, सगळ्या यत्नांत राष्ट्रीय अभिमानाची तीव्र भावना जपपाचे प्रोत्साहन दिले. शाळेच्या हीरक महोत्सवी समारंभात विद्यार्थ्यांकडे आणि मुख्याध्यापकांकडे संवाद साधताना तांणी हे सांगले. राष्ट्र उभारणीत संरक्षण मंत्रालयाच्या अंतर्गत येवपी शाळांची भूमिका तांणी मान्य केली. ह्यो संस्था फक्त शिक्षण केंद्रा ना तर मुखावेल्या पिळगेक प्रेरणा दिवपी माची आसात. कार्यक्रमावेळार, विद्यार्थ्यांनी तांच्या समग्र विकासात शाळा कशो मध्यवर्ती भूमिका निभायतात, हाचो अनुभव लेगीत सामायिक केलो.

गोयल - 100

भाजपा नवी दिल्लीत, पक्षाच्या खासदारांच्या कार्यशाळेत, फुडारातल्या पीळगेच्या जीएसटी सुधारणां वेलो थाराव एकमतान मंजूर केला. वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांनी सादर केल्या, या थारावात प्रधानमंत्रयांच्या या धाडसी आणि नागरिक-अनुकूल निर्णयाबद्दल, अभिनंदन केले आणि लोकांचे आभार मानले. या थारावात उत्पादक आणि व्यापाऱ्यांक, जीएसटी दर कपातीचो लाभ, ग्राहकांक दिवपाचे आवाहन केले. प्रधानमंत्री मोदी भाजप खासदारांच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या, समारोप सत्रात उलयले. संसद संकुलात बालयोगी सभागृहात दोन दिसांची हि कार्यशाळा सुरू जाली. कार्यशाळे वेळार, उपराष्ट्रपती वेचणुके खातीर मतदान प्रक्रियेविशी मूलभूत प्रशिक्षण भाजप खासदारांक दिले. कार्यशाळेच्या पयल्या दिसा उपरांत, हेविशी माध्यमांकडे संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू उलयले.

( Byte – Rijiju )

रेव – 50

बेकायदेशीर रेव उत्खनन प्रकरणासंदर्भात अंमलबजावणी संचालनालय, पश्चिम बंगालात खुपशा सुवातांनी  छापे घालता. ईडीचे अधिकारी पश्चिम मेदिनी-पूर, नादिया, झारग्राम, उत्तर २४ परगणा आणि कोलकाता सयत हेर जिल्ह्यांनी, खाजगी संस्थां काम करपी वेगवेगळया व्यक्तींची चौकशी करतात. ईडीन छापे घाल्यो सगळयो सुवाती, केंद्रीय निमलष्करी दलांनी सुरक्षित केल्यात.

फिजिओथेरपी - 40

जागतिक फिजिओथेरपी दिसानिमित्त, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फिजिओथेरपी क्षेत्रातल्या सगळयांच्या समर्पित यत्नांची तोखणाय केली. सोशल मीडिया पोस्टात मोदी हाणी गतिशीलता वाडोवन, प्रतिष्ठा सांबाळुन आणि जीवनाचो दर्जो सुधारून व्यक्तींचे, खासा करून वृद्धांचे कल्याण वाडोवपाक तांच्या महत्त्वपूर्ण योगदानाचे कौतुक केले.

बुद्धिबळ - 40

बुद्धिबळात, भारताच्या दिव्या देशमुखान, उझबेकिस्तानात जाल्या FIDE ग्रँड स्विस २०२५ च्या उक्त्या गटात, तिचे पयले जैत जोडले. काल चौथ्या फेरयेत, इजिप्तच्या GM बसेम अमीनचो ताणे पराभव केलो. हालीच FIDE विश्वचषक विजेतेपद पटकावपी दिव्यान, सिसि-लियन डिफेन्सात तिच्या उच्च दर्जाच्या प्रतिस्पर्ध्याक हारायले.

फुटबॉल - 70

फुटबॉलांत ताजिकिस्तानांतल्या हिसोर सेंट्रल स्टेडियमांत जाल्ल्या, काफा नेशन्स कप 2025त  ओमानाक हारोवन, भारतान कांस्य पदक जिखलें. उदांता सिंगान भारताखातीर बरोबरी केल्या उपरांत, निर्धारित वेळार 1 आड1 अशी मॅच सोंपली. पेनल्टी शूटआउटांत, ओमानान पयली दोन संद चुकयली आनी गुरप्रीत

सिंग संधुन निमाणी पेनल्टी वाचयली आनी भारतान 3 आड 2 अशी जैत मेळयलें. आंतरराष्ट्रीय फुटबॉल मॅचींत भारतान ओमानाक हारावपाची, ही पयलीच खेप  आसा आनी ही तांच्या मोहिमेची इतिहासीक समाप्ती थारल्या.

हवामान - 60

भारतीय हवामान खात्यान आयज, उपहिमालय अस्तंत बंगाला सयत, ईशान्य भारतात घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. अंदमान आनी निकोबार जुंवे, बिहार, झारखंड, केरळ, माहे, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी तेलंगना वाठारांत गडगड, वीज आनी वादळी वारेंसंयत मोठो  पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयज सौराष्ट्र, कच्छ, छत्तीसगड, अस्तंत राजस्थान, मध्य प्रदेश आनी उत्तराखंडातय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- उपराष्ट्रपती पदा खातीरच्या वेंचणुकेखातीर, आज संसद भवन परिसरात वेचणूक जातली. सांजे ६ उपरांत, मतमोजणी जातली.

- प्रधानमंत्री मोदी आयज, हुंवार परिस्थितीचो आनी आदार पुनर्वसन यत्नांचो नियाळ घेवपाखातीर हिमाचल प्रदेश आनी पंजाब भेटेर वतले.

- फुटबॉलांत ताजिकिस्तानांत जाल्ल्या, काफा नेशन्स कप 2025त ओमानाक हारोवन, भारतान कांस्य पदक जिखलें.

- बुद्धिबळात, भारताच्या दिव्या देशमुखान, FIDE ग्रँड स्विस २०२५च्या उक्त्या गटात, तिचे पयले जैत जोडले.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज, उपहिमालय अस्तंत बंगाला सयत, ईशान्य भारतात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.
नमस्कार